10th May 2026

8.40am

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, कर्नाटक आनी तेलंगणाक भेट दितले. प्रधानमंत्री बेंगळुरूंतल्या 'आर्ट ऑफ लिविंग' आंतरराष्ट्रीय केंद्रांत, नव्यान बांदिल्ल्या ध्यान मंदिराचें उक्तावण करतले.
2. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी एन. रंगसामी हांची पुडुचेरीचे मुख्यमंत्री म्हणून नेमणूक केल्या. लेफ्टनंट गव्हर्नर K. Kailash-nathan हाणी रंगसामी हांका, नवे सरकार घडोवपाक केला आमंत्रित.
3. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत, उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.
4. आसाम भाजपा विधीमंडळ गटाची, फुडारी वेंचून काडपाखातीर, आयज गुवाहाटींत बसका जातली.
5. आनी खेळात
6. आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी लखनौ सुपर जायंटस पंगडामदी, एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार दनपारां 3.30 वरांचेर खेळ जातलो.

प्रधानमंत्री मोदी कर्नाटक

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज कर्नाटक आनी तेलंगणाक भेट दितले. सकाळीं सुमार 11 वरांचेर, प्रधानमंत्री बेंगळुरूंतल्या द आर्ट ऑफ लिव्हिंगाच्या 45व्या वर्धापन दिस उत्सवांत वांटो घेतले आनी आर्ट ऑफ लिविंग आंतरराष्ट्रीय केंद्रांत, नव्यान बांदिल्ल्या ध्यान मंदिराचेंय उक्तावण करतले. तशेंच ह्या कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री मोदी ह्या मेळाव्याक, मार्गदर्शन करपाचे आसात.

ते उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, हैदराबादाक वतले आनी सुमार ९ हजार 400 कोटी रुपयांच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालुन, उक्तावण करतले. ते हैदराबाद-पनाजी अर्थीक मार्गाचेर, गुडे-बेल्लूर ते महबूब-नगर मेरेनच्या राष्ट्रीय म्हामार्ग-167 च्या, चौपदरीकरणाचो बुन्यादी फातर घालतले. जाचो वट्ट प्रकल्प खर्च ३ हजार 175 कोटी रुपयां परस चड आसतलो.

पीएम मित्रा येवजणे खाला वारंगल हांगा विकसीत केल्ल्या, पीएम मित्रा उद्यानाचें उक्तावण प्रधानमंत्री करतले. भारताच्या भलायकी जतनाय मुळाव्या साधन सुविधेतले, कॅन्सराचेर केंद्रीत आशिल्ले मल्टी सुपर स्पेशॅलिटी सिंधु हॉस्पिटल, प्रधानमंत्री राष्ट्राक समर्पित करतले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी एन. रंगसामी हांची पुडुचेरीचे मुख्यमंत्री म्हणून नेमणूक केल्या. हे नेमणुके उपरांत, लेफ्टनंट गव्हर्नर K. Kailash-nathan हाणी रंगसामीक, संघ राज्यांत नवे सरकार घडोवपाचें आपोवणें दिलें. रंगासामी 13 मे दिसा, मुख्यमंत्रीपदाचो सोपूत घेतले. 9 एप्रीलाक जाल्ले वेंचणुकेंत AINRCच्या फुडारपणा खाला, एनडीए सरकरान बेसबरे जैत मेळयल्या उपरांत, रंगासमी पांचवे खेपे मुख्यमंत्री म्हणून पदभार घेवपाचे आसात. 4 मे दिसा निकाल जाहीर जाल्ले.

सुवेन्दु अधिकारी

कोलकाताच्या ब्रिगेड परेड मैदानार काल जाल्ल्या सुवाळ्यांत, सुवेन्दु अधिकारी हांणी अस्तंत बंगालातले भाजपाचे पयले मुखेलमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. राज्यपाल आर.एन. रवी हाणी मुखेलमंत्री आनी पांच नव्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांक, पद आनी गोपनीयेचो सोपूत दिलो. ह्या मंत्रीमंडळांत दिलीप घोष, अग्नि-मित्रा पॉल, अशोक कीर्तनिया, निशीथ प्रामाणिक आणि क्षुदि-राम टुडू हांचो आस्पाव जाता. सोपूत घेतल्या उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना, मुखेलमंत्री सुवेन्दु अधिकारी हांणी सांगलें, कि

मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सुवेन्दु अधिकारी आनी पांच नव्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांक परबीं दिल्या. ह्या फुडाऱ्यांनी गावगीर्या पांवड्यार मेहनत करून, लोकांची सेवा केल्या आनी ते अस्तंत बंगालाचे उदरगतीची दिका आनीक घटमूट करतले, असो विस्वास ताणी उक्तायला.

इतले मजगती, सुवेंदू अधिकारी हांच्या फुडारपणा खाला भाजपा सरकारान अस्तंत बंगालांत, नव्या युगाची सुरवात केल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. अस्तंत बंगालात जाल्ले सोपुतविधी सुवाळ्याक मुखेलमंत्री सावंत हांणी हाजेरी लायल्ली. अस्तंत बंगालचे मुखेलमंत्री सुवेंदू अधिकारी आनी हेर मंत्र्यांक गोंयचे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी परबीं दिलीं.

विदेश व्यवहार मंत्री

त्रिनिदाद आनी टोबॅगो भेटी वेळार, विदेश व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी भारत , त्रिनिदाद आणो टोबॅगो हांचे मदल्या पारंपरिक संबंधांची तोख्णाय करताना सांगले, कि

तशेच मंत्री एस. जयशंकर हाणी त्रिनिदाद आनी टोबॅगोच्या प्रधानमंत्र्यांची भेट घेवून, द्विपक्षीय सहकार्य आनिक घटमुट करपावीशी भासभास केली. ह्या वेळार पर्यटन, विदेश मंत्रालय आनी कॅरि-कॉम वेव्हार इमारती खातीर सौर उर्जा, जायते प्रकल्प आनी आयुर्वेद केंद्राची स्थापणूक, हांचे सयत जायत्यो कबलाती जाल्यात, अशें मंत्री जयशंकर हाणी सांगलें.

अमित शाह

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत, उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. तातूंत संभाव्य हुंवार आनी उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती

हाताळपा खातीर, देशाची तयारेचो नियाळ घेतले. हे बसके वेळार मंत्री शाह केंद्र सरकाराच्या एजन्सींची तयारी, सुरवातीची शिटकावणी दिवपी प्रणालींचो नियाळ घेतले. संसाधन आनी एजन्सी मदल्या समन्वयाचेर चर्चा करतले. तशेंच देशभरांत घेतिल्ल्या, दीर्घकाळ हुंवार कमी करपाच्या उपायांचो ते नियाळ घेतले. समुदाय जागृताय, जिवीत आनी मालमत्तेचें लुकसाण आडावपा खातीर आनी गरजेच्या आदार साहित्याचो फावो तो सांठो तशेच वैजकी तयारी सुनिश्चीत करपा खातीर लवचीकता निर्माण करपाचे कार्यावळीचेर, हे बसकेंत चर्चा जातली.

आसाम भाजपाची बसका

आसाम भाजपा विधीमंडळ पक्षाची आपलो फुडारी वेंचून काडपाखातीर, आयज गुवाहाटींत बसका जातली. नव्यान वेंचून आयिल्ले भाजपाचे आमदार आयज सकाळीं 9 वरांचेर, अटल बिहारी वाजपेयी भवनांत बसका घेतले. मजगतीं, आसामांत सेगीत तिसरे खेपे, एनडीए सरकाराच्या सोपूतविधी सुवाळ्याची तयारी, नेटान सुरू आसा.

MIFF फेस्टिव्हल

19वो मुंबय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव, MIFF 15 ते 21 जून 2026 मेरेन एन.एफ.डी.सीच्या आवारांत, मुंबयत जावपाचो आसा. ह्या महोत्सवा खातीर प्रतिनिधी नोंदणी सुरू जाल्या. संवसारभरांतले चित्रपट निर्माते, कलाकार, माध्यम वेवसायीक आनी सिनेमा मोगी एकठांय येतले. मुंबय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव, हो चित्रपट निर्मात्यां खातीर एक म्हत्वाची माची थारल्या. इत्सूक भाग घेवप्यांनी अधिकृत MIFFच्या "miff.in स्लॅश en" ह्या संकेतथळा वरवीं ऑनलायन नोंदणी करूं येता.

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेटांत, जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत काल रातीं जाल्ल्या मॅचीत, गुजरात टायटन्सान, राजस्थान रॉयल्साक 77 धांवड्यांनी हारयलो. गुजरात टायटन्सान, राजस्थान रॉयल्सामुखार 230 धांवड्यांची मोख दवरिल्ली. ताका जाप

दितना, राजस्थान रॉयल्स 16.3 ओव्हरींनी फकत 152 धांवड्यो काडपाक पावलो. पयली  फलंदाजी करताना गुजरात टायटन्सान, 20 ओव्हरींनी 4 विकेटीं वगडावन, 229 धांवड्यो केल्यो. मजगती, आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी लखनौ सुपर जायंटस पंगडामदी, एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार दनपारां 3.30 वरांचेर खेळ जातलो. आयचे दुसरे मॅचींत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं, रायपूरच्या शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमार, सांजे 7.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

हवामान

भारतीय  हवामान खात्यान केरळ, माहे, लक्षद्वीप, तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी आयज उतंन्गाराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. छत्तीसगड आनी अस्तंत बंगालात आयज गडगड मारपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण, फुडल्या 2-3 दिसांत ईशान्य भारत, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, बिहार, झारखंड, लक्षद्वीप, ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा. गुजरात आनी अस्तंत राजस्थानात आयज उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास आसा. कोंकण आनी गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामान आसतले.

कळोवणी

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा  विभागावरवीं, कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा निवेदक घेवपाचे आसात, ते खातीर अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आस्पाक जाय. पिराय २१ ते 50 वर्सां, कोकणी भाषेचे आनी अनुवाद करपाचे गिन्यान आसप, गरजेचे आसा. इच्छुक उमेदवारानी १७ मे २०२६ मरेन अर्ज कारचो, अशे कळीत केला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, कर्नाटक आनी तेलंगणाक भेट दितले. प्रधानमंत्री बेंगळुरूंतल्या 'आर्ट ऑफ लिविंग' आंतरराष्ट्रीय केंद्रांत, नव्यान बांदिल्ल्या ध्यान मंदिराचें उक्तावण करतले.
2. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी एन. रंगसामी हांची पुडुचेरीचे मुख्यमंत्री म्हणून नेमणूक केल्या. लेफ्टनंट गव्हर्नर K. Kailash-nathan हाणी रंगसामी हांका, नवे सरकार घडोवपाक केला आमंत्रित.
3. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत, उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.
4. आसाम भाजपा विधीमंडळ गटाची, फुडारी वेंचून काडपाखातीर, आयज गुवाहाटींत बसका जातली.
5. आनी खेळात
6. आयज चेन्नय सुपर किंग्स आनी लखनौ सुपर जायंटस पंगडामदी, एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमार दनपारां 3.30 वरांचेर खेळ जातलो.
7. इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!